regional news on 09.04.2026 @ 7.25 Am

Rashmi rohan

AI मसुदा धोरण तयार करपाच्या फांटभुयेर म्हायती आनी तंत्रगिन्यान मंत्री रोहन खंवटे हांणी goa technology association, goa electronics limited, goa chamber of commerce and industry च्या जाळवणदारांकडे खासा बसका घेतली. ह्यावेळार AI मळावेल्या जाळवणदारांकडल्यान सत्तावन सुचोवण्यो आयल्यात. AI मसुदा धोरण 100 दीसाभितर तयार करपाची सरकारान मोख दवरल्या अशी म्हायती ह्या पयली मंत्री रोहन खंवटे हांणी अर्थसंकल्पिय अधिवेशनावेळार दील्ली.
'AI फॉर गव्हर्नन्स अँड सोशल इम्पॅक्ट' कार्यशाळा, नागरिक सेवां खातीर ai चॅटबॉट सुरू करप आनी गोवा AI हॅकथॉन सुरू करप हांचेवीशी ह्यावेळार चर्चा जाली.तशेंच शिक्षण आनी कुशळटाय हांचेरय ह्या मिशनांत खर भर दिला. शाळा आनी म्हाविद्यालयांनी AIची वळख करून दिवप, AI लॅब स्थापन करप आनी शिक्षकांक प्रशिक्षण दिवपाची येवजण आसा. AI चड सुलभ करपाच्या यत्नांत कोंकणी LLM तयार करपा खातीर भाशिणी वांगडा भागीदारी करप हांचो आस्पाव जाता. ते भायर DITE&C खात्यां खातीर ai readiness इंडेक्स आशिल्ल्या ai कोश प्रकल्पाचेर काम करता आनी गोंयांत ai सेंटर ऑफ एक्सेलन्स स्थापन करपाची येवजण आसा अशी म्हायती ह्यावेळार मंत्री रोहन खंवटे हांणी दील्या.

Elections गणेश and रश्मि

प्रीतम हरमलकर आणि अंकिता कामत यांनी दाखल केल्या याचिकांक परवानगी दिल्या उपरांत गोय फांटो मुंबई उच्च न्यायालयान फोंडा विधानसभा पोट वेचणुकीची अधिसूचना रद्द केली.

फोंडा पोटवेंचणूक रद्द करपाचो आदेश मुंबय उच्च न्यायालयान दिल्या उपरान आयज जावपी पोटवेचणूक रद्द करपी अधिसुचोवणी वेचणूक आयोगान जारी केल्या.

हाका लागून फोंडा मतदारसंघा खातीर आयज मतदान जावचे ना

विधानसभेचो पांच वर्सांचो कार्यकाळ  सोंपपाक एक वर्सा परस उणो काळ आशिल्ल्याचें सांगून फोंडेंची पोटवेंचणूक रद्द करपाचो निवाडो गोयच्या मुंबय उच्च न्यायालयान दिलान्यायाधीश वाल्मिकी मीनेजीस आनी अमित जामसंडेकर हाणी हो निवाडो दिलो.

बिर्ला रश्मि

गोंयच्या दाबोळी आंतरराष्ट्रीय विमानतळार  लोकसभा सभापती ओम बिर्ला  हांचे आगमन जाले .शिश्टाचार मंत्री मावीन गुदीन्हो हांणी  तांका येवकार दीलो.गोंय विधानसभेंत CPA इंडिया region  झोन-आठव्या परिशदेत मुखेल सोयरे म्हण ते गोयात आय्ल्यात .  ही  परिशद 9 -10 एप्रिल  ह्या काळांत  गोवा मॅरियट रिसॉर्ट, मीरामार हांगा आयोजित केल्या.
ह्या परिशदेंत 9 एप्रिल  जावपी “2047 मेरेन विकसीत भारताचीं ध्येयां साध्य करपाक तरणाट्या आमदारांची भुमिका” आनी 10 एप्रिल 2026 दिसा जावपी “वेपार, पर्यटन, शारीकरण, पर्यावरण आनी दर्यादेगेवेल्या जोडणींत झोन-VII ची प्राधान्यताय” अशीं दोन विशयात्मकपूर्ण अधिवेशनां आसतलीं.

Rashmi

गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्री) आनी world peace university  हांच्या जोडपालवान नामनेचे  शास्त्रज्ञ आनी ‘गोंयचे  पूत’ प्राध्यापक . रघुनाथ माशेलकार हांचो भौमान सुवाळो  आयोजित केला.

हो सुवाळो 16 एप्रिलाक पणजे कला अकादमीत मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जातलो अशी म्हायती gcci ची अध्यक्ष प्रतिमा धोंड हांणी दील्या.पणजे gcci सभाघरात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत ती  उलयताली .

महेश

गोंयची फिल्म निर्माती सायीस्मा नायक हांणी तयार केल्लो एआय निर्मित लघुपट “टोटो - अ रेस्क्यूड लव” हाची 10 एप्रील 2026 दिसा ऑनलायन जावपी एआय झोन आंतरराष्ट्रीय एआय फिल्म महोत्सवा खातीर निवड जालया .हो महोत्सव फकत कृत्रिम बुद्धिमत्तेचो वापर करून तयार केल्ल्या चित्रपटांचेर लक्ष केंद्रीत करता आनी एआय चालीत सिनेमा खातीर जागतीक माची  म्हणून काम करता.

सायीस्मा नायक हे फोन्देचे  21 वर्सां पिरायेची फिल्म निर्माते  आनी तिणे पंजीच्या डॉन बॉस्को कॉलेजींतल्यान मास कम्युनिकेशन पदवी प्राप्त केल्या .

Announcement 40

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात. इत्सुक उमेदवार ३० एप्रिल २०२६ मेरेन अर्ज करू शकतात.

संपादकीय सहाय्यक  वृत्तवाचक. सीजी ऑपरेटर आनी वेबसाइट सहाय्यक पदाखातीर पात्र उमेदवारांनी आपलो बायो-डेटा, रंगीत फोटो आनी ' आणि साक्षांकित कागदपत्रा उपसंचालक (वृत्त), दूरदर्शन केंद्र, आल्टिन्हो, पणजी हांगा दिवची

स्पोर्ट्स

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालय पणजी हांणी कांपाल पणजी हांगा आयोजीत केल्ले 19 वर्सा skaylya  चल्यांचे खो खो सर्तीत दिवचल म्हालांतल्या मुळगांवच्या ज्ञानप्रकाश उच्च माध्यमीक विद्यालयान आंतर उच्च माध्यमीक विद्यालय राज्य पांवड्या वयले खो-खो सर्तीत उपवस्तादपण मेळयलें.

Imd

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 33.4 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 22.5 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.